# अन्न तपासणी भोवती प्रयोगशाळा

ता. 28 फेब्रुवारी 2018
9 फाल्गुन 1939

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान अन्न सुरक्षीतायेखातीर भोवती अन्न तपासणी प्रयोगशाळा सूरू केल्या. ह्या भोवत्या प्रयोगशाळेचे हालीच मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे हस्तूकीं भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांचे हाजीरीत उक्तावण जाले.

ह्या भोवत्या प्रयोगशाळेत दुध, मसाले, म्होव, अन्नातले रंग, पिवपाचे उदक आनी हेर अन्न पदार्थ आनी उत्पादनातली भेसळ आनी दर्जो तपासणीखातीर आधुनिक यंत्रणा आसा. ह्या प्रयोगशाळेमार्फत आता सर्वसामान्य लोकांक तशेंच अन्न वेवसायीकांकय सेवा उपलब्ध केल्या. वेगवेगळ्या जाग्यांचेर आयोजीत शिबीरात अन्नाचे नमूने स्वीकारून प्रयोगशाळेत तपासणी करतले.

दुध आनी दुधाच्या पदार्थांच्या प्रत्येक नमुन्याच्या तपासणीखातीर रू. 400/-, बाटली बंद पिवपाच्या उदकाची तपासणी रू. 300/- आनी हेर अन्न पदार्थ तपासणी खातीर रू. 150/- अशें नावापूरते शुल्क आकारतले.